**आयतारा फर्मागुडयेर राज्य पांवड्यावयलो छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सुवाळो**

ता. 17 फेब्रुवारी 2023

राज्य पांवड्यावयलो छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती सुवाळो आयतार ता. 19 फेब्रुवारी 2023 दिसा फर्मागुडी-फोंडा हांगा जातलो. म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन बांदोडा ग्रामपंचायत आनी जिल्हा पंचायत सदस्य, कवळे हांच्या सहकार्यान आयोजीत करपात येवपी सुवाळ्याक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, कृशीमंत्री श्री. रवी एस. नाईक, वीजमंत्री श्री. रामकृष्ण (सुदीन) ढवळीकर, उदकास्रोत मंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर, कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे, फोंडेचे नगराध्यक्ष श्री. रितेश आर. नाईक, बांदोडेचे सरपंच श्री. सुखानंद गावडे, जिल्हा पंचायत वांगडी श्री. गणपत डी. नाईक, म्हायती आनी प्रसिध्दी सचिव श्री. सुभाष चंद्रा, म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर, कोल्हापूर महाराष्ट्र हांगाचे इतिहासकार डॉ. अमर अडके आनी हेर मानेस्त उपस्थित आसतले.

सकाळी 8.45 वरांचेर मानेस्तांच्या हस्तुकीं छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या पुतळयाक फुलाहांर घालून कार्यक्रमाक सुरवात जातली. उपरांत धोल-ताशा पथकाचो कार्यक्रम जातलो. कोल्हापूर महाराष्ट्र हांगाचे इतिहासकार डॉ. अमर अडके हांचे छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या जीणेचेर भाशण जातले.

छत्रपती शिवाजी महाराज जयंती निमतान म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या जीणेचेर उच्च माध्यमिक विद्यार्थ्यांखातीर अखिल गोंय नाट्य प्रवेश सर्त आनी आंतर महाविद्यालयीन प्रश्नमंजूशा सर्तीचे आयोजन केला. ह्या दोनीय सर्तीतल्या जैतवंत पंगडांक रोख इनामां आनी प्रशस्तीपत्र भेटयतले.

सांजेच्या 7.00 वरांचेर ओम् कला सृश्टी, नागेशी बांडोडा वतीन “श्रीमान योगी” ह्या इतिहासीक नाटकाचो प्रयोग सादर करपात येतलो. तशेंच ता. 18 ते 23 फेब्रुवारी मजगती राज्यांत साबार कडेन विंगड विंगड इतिहासीक नाटकांचे प्रयोग जातले.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2023/151

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.